Panaji National 13th February 2026 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सेवा तीर्थ आनी कर्तव्य भवन-1 आनी 2 चें उक्तावण करतले.

संसदेन उद्देगीक संबंद संहिता (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 संमत केला.

आयज संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात.

दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं अ गटांतल्या मॅचींत भारतान नामिबियाक 93 धांवड्यांनी हारयलो.

PM – 165

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज राष्ट्रीय राजधानींत सेवा तीर्थ इमारत संकुलाच्या नावफलकाचे अनावरण करतले. ते उपरांत प्रधानमंत्री सेवा तीर्थ आनी कर्तव्य भवन-1 आनी 2 चें औपचारीक उक्तावण करतले आनी सांजवेळा ते सेवा तीर्थ हांगा भौशीक कार्यावळींतय उलोवप करतले. हे उक्तावण देशाच्या प्रशासकीय प्रशासन रचनेतलो एक परिवर्तनकारी

वाटचिरो. तसेच आधुनिक, कार्यक्षम, सुलभ आणि नागरिक-केंद्रित प्रशासन व्यवस्था उभारपाच्या प्रधानमंत्री मोदी हांच्या बांधिलकेचेय हे प्रतीक.

सेवा तीर्थांत प्रधानमंत्री कार्यालय,राष्ट्रीय सुरक्षा परिषद सचिवालय,कॅबिनेट सचिवालय आसतले, पयली हि वेग वेगळ्या जाग्यांचेर आशिल्ली.

कर्तव्य भवन-१ आनी २ हातूंत अर्थ मंत्रालय, संरक्षण मंत्रालय, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय, शिक्षण मंत्रालय, म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालय ह्या सारकी जायती

Budget - 35

संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या पयल्या टप्प्याचो आयज निमाणो दीस. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो पांवडो 9 मार्चाक सुरू जातलो आनी 2 एप्रील मेरेन चलतलो. काल अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी राज्यसभेंत केंद्रीय अर्थसंकल्पा विशीं जाल्ले चर्चेक जाप दिली.

Gandhi - 50

शेती मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी लोकसभेतले विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी हांचेर खर टिका केल्या. गांधी हांका देशातल्या शेतकाऱ्यांची चिंता ना अशे तांणी म्हळें.

लोकसभेंतले विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी चुकीची म्हायती पातळावन निराधार आरोप करतात असो आरोप वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी केला. Byte -33secs

Defence – 100

सशस्त्र दळांची क्षमता वाडोवपा खातीर संरक्षण खरेदी मंडळान काल सुमार तीन लाख साठ हजार कोटी रुपयांच्या प्रस्तावांक मान्यताय दिल्या. भारतीय हवाई दळाखातीर मल्टी रोल फायटर एअरक्राफ्ट (MRFA) राफेल आणि हेर लष्करी हार्डवेअर, जातूंत कॉम्बॅट मिसाईल्स आणि (Air-Ship Based High Altitude Pseudo Satellite) एअर-शिप बेस्ड हाय अल्टिट्यूड स्यूडो सॅटेलाइट हांचो आस्पाव आसा, खरेदी करपाखातीर गरजेची स्वीकृती (AoN) दिल्या अशी म्हायती संरक्षण मंत्रालयान दिल्या. मंत्रालयान सांगलें, खरेदी करपा आशिल्ले भोवतेक MRFA ची निर्मिती भारतात जातली.

मजगतीं, संरक्षण मंत्रालयान हिंदुस्तान एरोनॉटिक्स लिमिटेड कंपनी कडेन आठ डॉर्नियर 228 विमानां खरेदी करपा खातीर कबलात केल्या. दोन हजार तीनशें बारा कोटी रुपयांच्या कंत्राटांत भारतीय तटरक्षक दळाखातीर खातीर ऑपरेशनल रोल उपकरणांचोय आस्पाव आसा.

Industrial code – 50

संसदेन उद्देगीक संबंद संहिता (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 संमत केला.राज्यसभेन काल ताका मान्यताय दिल्या. लोकसभेन तें पयलींच संमत केल्ले. राज्यसभेंत कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी सांगले, कायदेशीर स्पष्टते खातीर हे सुधारणा विधेयक हाडला. Byte – mandviya 26

EC WB – 120

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला आयज अस्तंत बंगालाच्या सीईओ आनी हेर अधिकाऱ्यां बरोबर virtual बसका घेवन मतदार वळेरेच्या खाशेल्या सघन सुदारणा (एसआयआर) संबंदीत कामांचो नियाळ घेतले. आयोगाच्या सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण सकाळीं 11 वरांचेर बसका सुरू जातली. राज्याचे मुखेल वेंचणूक अधिकारी, जिल्लो दंडाधिकारी (जे जिल्लो वेंचणूक अधिकारी म्हणूनय काम करतात), आनी रोल निरिक्षक हाजीर आसतले. वेंचणुकेच्या कामांत वांटो घेवपी अधिकाऱ्यांची भुमिका सयत वेगवेगळ्या बाबींचो हे बसकेंत नियाळ जातलो.

NPC – 60

राष्ट्रीय उत्पादकता परिशदेन काल नवी दिल्लींत आपलो 68वो स्थापणूक दीस मनयलो आनी राष्ट्रीय उत्पादकता सप्तकाची सुरवात जाली. हो सप्तक 18 फेब्रुवारी मेरेन देशभर

चलतलो.नवी दिल्लींतल्या इंडिया हॅबिटॅट सेंटरांत जाल्ल्या कार्यावळींत एनपीसीचे अध्यक्ष आनी उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रसार खात्याचे (DPIIT) सचीव अमरदीप सिंग भाटिया हांणी 30 ट्रिलियन डॉलराची अर्थवेवस्था जावपाच्या दिशेने भारताची उत्पादकता परिसंस्था घटमूट करपाखातीर एक दूरदर्शी दृष्टिकोन मांडलो.

Radio – 60

आयज संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात. १९४६ वर्सा संयुक्त राष्ट्रांच्या रेडिओची थापणूकेच्या स्मरणार्थ दर वर्सा १३ फेब्रुवारीक हो दीस मनयतात. ह्या वर्साची थीम आसा “रेडिओ आनी कृत्रिम बुद्धिमत्ता: एआय हें एक साधन, आवाज

न्हय.” संवसारीक रेडिओ दीस २०२६ निमतान आकाशवाणी रा यपूर, छत्तीसगढ, युनेस्कोच्या जोड पालवांन आयज संवसारीक रेडिओ दीस परिशद घडोवन हाडटा. ही परिषद "रेडिओ आणि कृत्रिम बुद्धिमत्ता" या अधिकृत थीमीचेर केंद्रित आसा. सामान्य लोकां मेरेन म्हायती पावोवपाक रेडिओची भुमिका म्हत्वाची आसा अशें संवसारीक रेडिओ दिसा दिल्ल्या संदेशांत म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ एल मुरुगान हांणी सांगलां. byte

ICAR – 80

ICAR-भारतीय शेतकी संशोधन संस्था आयज नवी दिल्लींत आपलो 64वो दीक्षांत सुवाळो घडोवन हाडटली. ह्या वेळार शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान विद्यार्थ्यांक पदव्यो भेटयतले. तशेंच शेती आनी शेतकार कल्याण राज्यमंत्री भगीरथ चौधरी आनी रामनाथ ठाकुर ह्या सुवाळ्यांत वांटो घेतले. ह्या काऱ्यक्रमांत सुमार 450 विद्यार्थ्यांक M.Sc, M. Tech आनी पीएच.डी पदव्यो दितले.

आता मेरेन हे संस्थेन 12 हजारां वयर विद्यार्थ्यांक पदव्यो दिल्या अशें काल नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना आयसीएआर-भारतीय शेतकी संशोधन संस्थाचे संचालक श्रीनिवास राव हांणी सांगलें.

Jal shakti – 35

पिवपाचें उदक आनी नितळसाण खात्यान काल नवी दिल्लींत सुजलम भारत डेटाबेस आनी मोबायल ॲप्लिकेशनाचेर मास्टर ट्रेनर्सकां खातीर राष्ट्रीय पांवड्यावेलें प्रशिक्षण घडोवन हाडलें. कार्यशाळेंत जिल्लो तंत्रीक एकक चौकटीचेर सत्र आसपावीत आशिल्ल्याचें जल शक्ति मंत्रालयान सांगलें.

IMD – 55

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज जम्मू -काश्मीर आनी लद्दाखात काय सुवातींनी पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास

उक्तायला. फुडले दोन दीस मेघालय आनी हिमाचल प्रदेशात काय सुवातींनी सकाळच्या वेळार दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यानं सांगलां. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दीस कर्नाटकातलो दर्यादेगेवेलो वाटार, कोंकण आनी गोंयात कालोर जावपाची शक्यताय आयएमडीन उक्तायल्या.

Cricket – 110

दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर अ गटांतल्या मॅचींत भारतान नामिबियाक 93 धांवड्यांनी हारयलो. भारतान दिल्ल्या 210 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी नामिबिया 18.2 ओव्हरींनी 116 धांवड्यो करून ऑल आउट जालो.

आयज तीन मॅची आसात. कोलंबोच्या आर.प्रेमदासा स्टेडियमाचेर ग्रुप बी मॅचींत ऑस्ट्रेलिया झिम्बाब्वे आड खेळतली. ही मॅच सकाळीं 11.00 वरांचेर सुरू जातली. दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत गट डी त कॅनडा युएई आड खेळटलो. ही मॅच 03.00 वरांचेर सुरू जावपाची आसा. अ गटांत चेन्नयच्या एम.ए चिदंबरम स्टेडियमांत अमेरिका नेदर्लंडसा आड खेळतली. थळाव्या वेळा प्रमाण सांजवेळा 07.00 वरांचेर मॅच सुरू जातली.